26th July 2025

सकाळी - 8.40

## मुखेल खबरो

- भारतान मालदीवाकडेन सहकार्य वाडोवपा खातीर स समजिकायेच्या कबलातींचेर सय केल्या. 4 हजार 850 कोटी रुपयांची रिण सुविधा मालदीवाक दिवपाची केल्या घोषणा.
- आयज राजधानी माले हांगा जावपी, मालदीवाच्या 60व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या उत्सवांत, प्रधानमंत्री मोदी 'मानाचे सोयरे' आसतले.
- प्रधानमंत्री मोदी आयज सांजे, तुतीकोरीन हांगा चार हजार आठशें कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून राष्ट्राक समर्पित करतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, आतंकवाद आनी तस्करी वावरांत वांटो घेवपी पळून गेल्ल्या लोकांक परत हाडपा खातीर, उपाय येवजण आखपाचो निर्देश दिला.
- स्क्वासांत भारताची अनाहत सिंग हिणें, इजिप्तांतल्या कायरो शारांत जाल्ल्या, संवसारीक कनिश्ट सर्तींत कांस्य पदक जोडले.

INDIA MOU - 170

काल माले हांगाच्या राष्ट्रपती कार्यालयांत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी मालदीवाचे राष्ट्रपती मोहम्मद मुइझ्झू हांचे मदीं व्यापक उलोवणी जाले उपरांत, भारतान जायत्या क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपा खातीर मालदीवा वांगडा स समन्वय पत्रांचेर सय केली. मुखेल वाठारांनी नुस्तेमारी आनी जलसंवर्धन, हवामानशास्त्र, डिजिटल भौशीक मुळावी बांदावळ, यूपीआय हांचो आस्पाव जाता. ह्या राष्ट्रांतल्या मुळाव्या साधनसुविधा उदरगती खातीर आनी हेर कार्यावळींक आदार

दिवपा खातीर, भारतान 4 हजार 850 कोटी रुपयांची येवजन जाहीर केली. तशेंच दोनूय देशां मदीं दुरुस्ती कबलात जाली, जाका लागून मालदीवाचें वर्सुकी रिण फारीक करपाचें बंधन 40 टक्क्यांनी उणें जाता, जें 51 दशलक्ष डॉलरांतल्यान 2 पूज्य 9 दशलक्ष डॉलरांत जालां. आयज राजधानी माले हांगा जावपी, मालदीवाच्या 60व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या उत्सवांत, प्रधानमंत्री मोदी ‘मानाचे सोयरे’ आसतले.

पीएम तमिळनाडू - 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन, दोन दिसांच्या तमिळनाडू भोंवडेर वतले. ब्रिटन आनी मालदीवांतली दोन राश्ट्रांची भोंवडी पुराय केल्या उपरांत, प्रधानमंत्री मोदी थेट तुतीकोरीनाक वतले. प्रधानमंत्री आयज रातीं, तुतीकोरीन हांगा चार हजार आठशें कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून राष्ट्राक समर्पित करतले. ह्या प्रकल्पांक लागून प्रादेशिक जोडणेत वाड जातली, रसद कार्यक्षमताय वाडटली, निवळ उर्जा, मुळावी बांदावळ घटमूट जातली, आनी पुराय तमिळनाडूंतल्या नागरिकां खातीर जिणेचो दर्जो सुदारतलो.

गृहमंत्री अमित शाहा -

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, देशांतल्या कायद्याची अंमलबजावणी करपी संस्थांक, आतंकवादी आनी तस्करी करपाच्या वावरांत वांटो घेवपी, पळून गेल्ल्या लोकांक परत हाडपा खातीर, समर्पीत उपाय आखपाचो निर्देश दिला. काल नवी दिल्लींत दोन दिसांची राष्ट्रीय सुरक्षा रणनिती परिशद -2025सात, मंत्री शाह उलयताले. आतंकवाद अर्थीक यंत्रणेचो नियाळ घेतना, मंत्री शाहा हाणी अर्थीक अनियमित-ताये संबंदी विश्लेशण करून, आतंकवाद मॉड्यूल सोदून काडपाचे निर्देश एजन्सींक दिले.

मोदी - 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आपल्या दोन देशांच्या दौऱ्याच्या दुसऱ्या पावड्यार मालदीवाक पावल्यात. मोदी हांची राष्ट्रपती मुइ-झ्झू हांचेकडे परस्पर हिताच्या मुद्द्यांर चर्चा सुरु आसा. ऑक्टोबर २०२४त मालदीवच्या राष्ट्रपतींच्या, भारत दौऱ्यावेळार स्वीकारलेल्या व्यापक आर्थिक आणि दर्या सुरक्षा भागीदारी खातीर भारत-मालदीव संयुक्त दृष्टिकोनाच्या अंमलबजावणीतल्या, प्रगतीचो आढावो ह्या दोनय फुडाऱ्यांनी घेतलो. त्या भेटीमदी मालदीवात रुपे कार्ड लेगीन लाँच केले. आमच्या प्रतिनिधीकडे उलयताना मालदीवातले भारताचे उच्चायुक्त जी. बाला-सुब्रमण्यम हाणी सांगले की, मालदीवात यूपीआय लाँच करपा संदर्भात, दोन्ही वटेन वाटाघाटी करतात.

(Byte – Bala subramaniyam)

बिर्ला - 110

कारगिल विजय दिसाच्या २६व्या वर्धापन दिसानिमतान काल लोकसभेचे कामकाज, सकाळी ११ वराचेर सुरू झाले. तेन्ना सभाघरान देशाच्या शूर सैनिकांचे स्मरण केले आणि श्रद्धांजली ओपली. लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी देशाच्या रक्षणाखातीर आपले प्राण अर्पण करपी, भारतीय सशस्त्र दलांच्या शौर्य आणि पराक्रमाचे स्मरण केले. देशाच्या शूर सैनिकांच्या सन्मानार्थ सभाघरात शांतता पाळली.

(Byte – Birla Kargil )

ते उपरांत, बिर्ला हाणी विरोधकांक प्रश्नोत्तराचे वर सुरू करपाची विनंती केली. मात, विरोधी सदस्यांनी त्या आवाहनाकडे दुर्लक्ष केले आणि निषेध सुरू दवरलो जाका लागुन, सभाघर दनपार २ मेरेन, तहकूब केल्ले.

(Byte – OM Birla )

BREAK

कारगिल विजय दिस -

१९९९ वर्साच्या कारगिल झुजांत, आपलो जीव देशाक ओपिल्ल्या भारतीय सैनिकांच्या शौर्याचो भोवमान करपा खातीर, आयज देशभरांत कारगिल विजय दिस मनयतात. ह्या दिसा पाकिस्तानाचेर, भारतान जैत मेळयल्ल्याक २६ वर्सां पुराय जाली. हे कारवायेंत भारतीय सशस्त्र दळान जम्मू-काश्मीरांतल्या कारगिल जिल्ह्यांतले, पाकिस्तानी सैनिक आनी दहशतवाद्यांनी घुसपल्ले प्रदेश परतून मेळयल्ले. लद्दाखांत ह्या दिवसा निमतान आयज सकाळीं, द्रास वाठारांत पदयात्रेचे आयोजन जाले.

रिजिजू -

पहलगाम आतंकवादी हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूर खाला, भारतान दिल्लो प्रतिसाद हांचे विशीं सोमारा लोकसभेंत खाशेली चर्चा जातली, अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना रिजिजु हांणी सांगलें कि, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले वेवसायीक सल्लागार समितीचे बसकेंत, हो निर्णय घेतला. लोकसभेंत जावपी वाद - विवादाक 16 वरां दिल्यांत, जाल्यार मंगळारा राज्यसभा 16 वरां खातीर ताचेर चर्चा करतली, अशें तांणी सांगलें. विरोधी पक्ष ऑपरेशन

सिंदूराचेर चर्चा करपाची मागणी करतात आनी सरकारान पयल्या दिसा सावन तें मान्य केला.

बॅडमिंटन -

बॅडमिंटनांत आयज सकाळीं चांगझू हांगा जावपी, चीन उक्त्या सेमीफायनल सर्तींत भारतीय दादल्यांची स्टार दोट्टी जोडी सत्विक सैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी, मलेशियाच्या एरोन चिया आनी सोह वूई यिक हांचे आड खेळतली. काल क्वार्टर फायनलींत भारतीय जोडयेन मलेशियाच्या ऑंग य्यू सिन आनी तेओ ई यी हांकां 21-18, 21-14 अशे हारायले.

क्रिकेट -

क्रिकेटांत आयज, मॅन-चेस्टरांतल्या ओल्ड ट्रॅफर्डांत जावपी अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या चवथ्या कसोटीच्या चवथ्या दिसा, भारता आड 7 धांवड्यो करून, 544 धांवड्यो मेळोवन, येजमान इंग्लंड पयल्या डावाचो खेळ परतून सुरू करतलो. काल तिसऱ्या दिसा 186 धांवड्यांनी इंग्लंड मुखार आशील्लो.

स्क्वास -

स्क्वासांत भारताची अनाहत सिंग हिणें, इजिप्तांतल्या कायरो शारांत जाल्ल्या, संवसारीक कनिश्ट सर्तींत कांस्य पदक मेळयले. हे १५ वर्सांत देशातले पयले पदक थारला.

Weather - 140

अतिवृष्टीक लागुन ओडिशा, पश्चिम बंगाल, छत्तीसगड आणि विदर्भात आयएमडीन रेड अलर्ट जारी केला. आकाशवाणी न्यूज कडे उलयताना, वरिष्ठ आयएमडी शास्त्रज्ञ डॉ. आर के जेनामानी हाणी म्हणले की, कोकण, महाराष्ट्र, कर्नाटक आणि केरळ सयत देशाच्या पश्चिम आणि दक्षिण द्वीप कल्पीय भागात आज घोग्यांनी पावसाची परिस्थिती कायम उरतली.

(Byte – Jenamani)

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन छत्तीसगढ, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, विदर्भा, कोंकण, आनी गोयांत उटानगराचो पावस पडपाचो, रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच हवामान खात्यान अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, उदेंत राजस्थान, झारखंड, केरळ, माहे, मराठवाडा, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा, ओडिशा, दक्षिण कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकल वाठारांत आयज एकसुरे सुवातींनी, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच राजस्थान, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, जम्मू-काश्मीर, हरियाणा, आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखे मेरेन गडगड आनी जगला संयत, मध्यम ते चड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, दिल्लीत आयज हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारतान मालदीवाकडेन सहकार्य वाडोवपा खातीर स समजिकायेच्या कबलातींचेर सय केल्या. 4 हजार 850 कोटी रुपयांची रिण सुविधा मालदीवाक दिवपाची केल्या घोषणा.

- आयज राजधानी माले हांगा जावपी, मालदीवाच्या 60व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या उत्सवांत, प्रधानमंत्री मोदी 'मानाचे सोयरे' आसतले.

- प्रधानमंत्री मोदी आयज सांजे, तुतीकोरीन हांगा चार हजार आठशें कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून राष्ट्राक समर्पित करतले.

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी, आतंकवाद आनी तस्करी वावरांत वांटो घेवपी पळून गेल्ल्या लोकांक परत हाडपा खातीर, उपाय येवजण आखपाचो निर्देश दिला.

- स्क्वासांत भारताची अनाहत सिंग हिणें, इजिप्तांतल्या कायरो शारांत जाल्ल्या, संवसारीक कनिश्ट सर्तींत कांस्य पदक जोडले.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार